NATIONAL NEWS

20.06.2025 @ 8.40 AM

मुखेल खबरो

1 राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज देहरादूनांत राष्ट्रपती निकेतन आनी राष्ट्रपती तपोवन हांच्या उक्तावण सुवाळ्याक हाजीर रावतली

2 प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज बिहाराक आणि ओडिशाक भेट दितले

3 ऑपरेशन सिंधूचो एक भाग म्हणून, सरकारान भारतीय नागरिकांक इस्रायलातल्यान भायर काढपाचो निर्णय घेतला

4 प्रतिष्ठित स्थळां आणि ५० सांस्कृतिक स्थळांर योग सत्रांचे आयोजन करून ११ वो आंतरराष्ट्रीय योग दिस मनयतले.

5 क्रिकेटांत भारत आनी इंग्लंड हांचे मदीं पांच मॅचींच्या तेंदुलकर-अँडरसन ट्रॉफी मालिकेची पयली कसोटी आयज लीड्सांतल्या हेडिंग्ले हांगा सुरू जाता.

मुरमू 50

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज देहरादूनांत राष्ट्रपती निकेतन आनी राष्ट्रपती तपोवन हांच्या उक्तावण सुवाळ्याक हाजीर रावपाची आसात. खास म्हणल्यार राष्ट्रपती निकेतन आनी राष्ट्रपती तपोवन 24 जून सावन लोकां खातीर उक्ते करतले.तशेच राष्ट्रपती मुर्मू 132 एकरांच्या राष्ट्रपती उद्यानाची बुन्याद घालतली. एक वर्सा भितर हे उद्यान पुराय जावपाची शक्यताय आसा आनी ती भौसा खातीर समर्पित करतले.

मोदि 90

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज बिहाराक भेट दितले. सिवान जिल्ह्यांतल्या पचरुखी ब्लॉका खाला जसौली हांगा दनपारां 12 वरांचेर भौशीक बसकेंत ते उलयतले. जसौली सावन व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगां वरवी शार उदरगत, सांडपाणी प्रक्रिया, प्रधानमंत्री आवास येवजण आनी रेल्वेकडे संबंदीत 5900 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले आनी बुन्याद घालतले.

मुख्यमंत्री मोहन चरण माझी हांच्या फुडारपणा खाला ओडिशांतल्या पयल्या भाजपा सरकाराचें एक वर्स पुराय जाल्ल्यान भुवनेश्वरांतल्या जनता मैदानांर राज्य पांवड्यावेल्या कार्यावळींत वांटो घेवपा खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज दनपारां ओडिशाक भेट दितले. तशेंच 18,600 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले आनी बुन्याद घालतले.

जाधव 40

योग हो  फकत एक दीस करपाचो न्हय तर योग ही एक जीवनशैली. लोकांनी आपल्या जिवितांत योगाचो आस्पाव करचो आनी कुटुंबांतल्या वांगड्यांकय योग आसन करपाक प्रोत्साहन दिवचें अशें आवाहन आकाशवणी न्यूजाक  दिल्ले खाशेले मुलाखतींत स्वतंत्र प्रभार राज्यमंत्री  प्रताप्राव जाधव हांणी केले byte

सिंधु 40

ऑपरेशन सिंधूचो एक भाग म्हणून, सरकारान भारतीय नागरिकांक इस्रायलातल्यान भायर काढपाचो निर्णय घेतला. इराण आणि इस्रायलामदी सुरू आशिल्या संघर्षाक लागुन इबाडलेली परिस्थिती लक्षात घेवन भारतान इराणातल्यान आपल्या नागरिकांक भायर काडपाक ऑपरेशन सिंधू सुरू केला.

गोयल 110

वाणिज्य आणि उद्योग मंत्री पियुष गोयल हाणी म्हणला की भारत-ब्रिटन मुक्त व्यापार कबलात व्यापार, तंत्रज्ञान आणि गतिशीलतेमदी कृतीशील सहकार्याचो मार्ग मेकळो करता.  लंडनात इंडिया ग्लोबल फोरम २०२५ त उलयताना, मंत्र्यांनी भारताचे धोरणात्मक आर्थिक दृष्टिकोन सादर केले आणि प्रमुख क्षेत्रात द्विपक्षीय नफा वाडोवपाक रोडमॅपची रूपरेषा मांडली.  गोयल हाणी वाटाघाटी केल्या मजकुरातल्यान एफटीएचे रूपांतर परिवर्तनकारी आर्थिक भागीदारीत करपाच्या भारताच्या वचनबद्धतेची पुष्टी केली. या कार्यक्रमावेळार, त्यांच्या वांगडा यूकेचे व्यवसाय आणि व्यापार सचिव  जोनाथन रेनॉल्ड्स आशिल्ले.

सिक्कीम 60

सिक्किमांत कैलाश मानसरोवर यात्रा आयज सकाळीं 8.45 वरांचेर नाथुला सावन सुरू जातली. वट्ट 36 वांगडी ह्या पवित्र यात्रेक सुरवात करतले राज्यपाल यात्रेकरूं कडेन संवाद सादतले आनी यात्रेक पांचवो बावटो दाखयतले. वेगवेगळी खाती एकठांय येवन ही कार्यावळ यशस्वी करपा खातीर वावुरतात अशें सी.एस.राव हांणी सांगलें.byte

वर्मा 90

न्यायमूर्ती यशवंत वर्मा हांच्या निवासस्थानार रोख रक्कम मेळिल्याच्या आरोपांची चौकशी करपाक स्थापन केल्या तीन सदस्यीय समितीन असो निष्कर्ष काढला की दिल्ली उच्च न्यायालयाच्या आदल्या न्यायाधीशांक काढून उडोवपाक कारवाय सुरू करपाक फाव ते तथ्य आसा. पंजाब आणि हरियाणा उच्च न्यायालयाचे मुख्य न्यायाधीश शील नागू, हिमाचल प्रदेश उच्च न्यायालयाचे मुख्य न्यायाधीश जी.एस. संधावालिया आणि कर्नाटक उच्च न्यायालयाचे

न्यायाधीश अनु शिवरामन हांचो आसपाव आशिल्या  समितीन हो प्रकार तांका आडकावपाक रचला या त्यांच्या दाव्याचे खंडन केला. अहवाला प्रमाण नवी दिल्लीत न्यायमूर्ती वर्मा यांच्या निवासस्थानाच्या स्टोअररूमात रोख रक्कम सापडीली आणि स्टोअररूमात जळीली रोकड काढपाक त्यांच्या दोन घरगुती कर्मचाऱ्यांनी महत्वाची भूमिका निभायीली

योग 100

सांस्कृतिक मंत्रालय १०० पर्यटन-आधारित प्रतिष्ठित स्थळां आणि ५० सांस्कृतिक स्थळांर योग सत्रांचे आयोजन करून ११ वो  आंतरराष्ट्रीय योग दिस मनयतले. २१ जूनाक जावपी  हे कार्यक्रम आयुष मंत्रालयान विशाखापट्टणमात आयोजित केल्या मुख्य उत्सवांक पूरक थारतले जातुन प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी उपस्थित रावतले. मजगती संस्कृती आणि पर्यटन मंत्री गजेंद्र सिंह शेखावत राजस्थानातल्या जोधपूर हांगा ऐतिहासिक मेहरानगड किल्ल्यार योगा कार्यक्रमात सहभागी जातले. योग दिस मनोवपी कांय प्रतिष्ठित  सुवातीनी युनेस्कोच्या जागतिक दायज स्थळांचो असपाव आसा जशे की आसामातल्या चराईदेव मैदाम, गुजरातातल्या राणी की वाव आणि धोलावीरा, कर्नाटकातल्या हंपी आणि पट्टडकल, मध्य प्रदेशातली खजुराहो स्मारकां आणि सांची स्तूप, ओडिशातले कोणार्क हांगाचे सूर्य मंदिर, महाराष्ट्रातली एलिफंटा लेणी आणि तमिळनाडूतले तंजावर हांगाचे बृहदीश्वर मंदिराचो आसपाव आसा

लागू 20

मराठी आनी हिंदी ह्या दोनूय चित्रपटांनी काम केले नामनेचे  अभिनेता आणि दिग्दर्शक विवेक लागू काल ससाराक अंतरले तची  पिराय 74 वर्सा आशीलली

वैष्णव 90

केंद्रीय रेल्वे, म्हायती आनी प्रसारण आनी इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी आयटी मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी काल रशियेचे उपप्रधानमंत्री अलेक्सी ओव्हरचुक हांची भेट घेतली. येरादारी, जोडणी, मुळावी बांदावळ आनी दुर्मिळ पृथ्वी धातू अशा मळार सहकार घटमूट करपाचेर बसकेंत भर दिलो. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत वैष्णव हाणी रशियेचे उपप्रधानमंत्री अलेक्सी ओव्हरचुक हांचे कडेन फळादीक बसका जाल्या अशें सांगलां. उच्च पांवड्यावेली बसका सेंट पीटर्सबर्गांत जाली. सेंट पीटर्सबर्गांतल्या भारताच्या वाणिज्य दूतावासान दिल्ल्या पोस्टा प्रमाण केंद्रीय मंत्री सध्या रशियेंत आसा आनी सेंट पीटर्सबर्ग आंतरराष्ट्रीय अर्थीक मंच SPIEF 2025 त वांटो घेतले, जो 18 जून सावन सुरू जाला  आनी 21 जून मेरेन चालू उरतलो.

ओराम 35

केंद्रीय आदिवासी वेव्हार मंत्री जुआल ओराम हांणी सांगलें, की सरकार आदिवासी समाजाच्या उदरगती खातीर सुमार 2.5 लाख कोटी रुपया खर्च करता. आकाशवाणी न्यूजाकडे उलयतना

मंत्री ओराम हांणी सांगलें की हे पयशे वेगवेगळी मंत्रालया आदिवासी समाजाच्या उदरगती खातीर खर्च करतात.

शाह 60

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह काल सांजवेळा बेंगळुरूक पावले. शाह हाणी भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी आनी कर्नाटकाचे आदले मुख्यमंत्री बी.एस. येडियुरप्पा हांची भेट घेतली. आयज शाह आदिचुंचनागिरी विद्यापिठाच्या बेंगळुरू कॅम्पसाचें उक्तावण करतले अशी माहिती ताणी सोशल मिडिया पोस्टांत दिल्या. मजगतीं, शाह 22 आनी 23 जुनाक छत्तीसगडाक दोन दिसांची भेट दितले जाका लागून ह्या वाठारांतली अंतर्गत सुरक्षा आनी उदरगत घटमूट करपाची केंद्राची वचनबद्धतायेचेर भर दितले.

AIFF 80

एआयएफएफचे आदले उपाध्यक्ष आनी कार्यकारी समितीचे वांगडी अतुओ मेजूर हांच्या मरनाचेर अखिल भारतीय फुटबॉल महासंघान दुख्ख उक्तायलां. आतुओ मेजूर हे खेळाच्या अग्रगण्य प्रशासकांपैकी एक आशीले. ताणी AIFF चे पदाधिकारी म्हणूनच न्हय तर नागालँड फुटबॉल असोसिएशनाचे अध्यक्ष आनी सरचिटणीस, नागालँड टेनिस असोसिएशनाचे अध्यक्ष आनी नागालँड ऑलिंपिक असोसिएशनाचे सरचिटणीस म्हणूनय काम केल्लें. 2004 वर्सा उत्तर आयर्लंड आनी इंग्लंड भोंवडेर इयान रश ट्रॉफी जिखपी भारत 19 वर्सां सकयल्या राश्ट्रीय पंगडाचे आनी 1998 वर्सा मॉरिशस भोंवडेच्या भारताच्या 21 वर्सां सकयल्या राश्ट्रीय पंगडाचे ते कर्णधार आशिल्ल.

राजा 70

इंदौरचो वेवसायीक राजा रघुवंशी हाच्या खळबळजनक खून प्रकरणांत मुखेल आरोपी सोनम रघुवंशी आनी राज कुशवाहा हांकां शिलांगांतल्या थळाव्या न्यायालयान दोन दिसांची पुलीस कादय दिल्या. उरिल्ल्या तीन आरोपींक 14 दिसांची न्यायालयीन कादय दिल्या अशी माहिती सरकारी वकील टी. चंद्रा हाणी दील्या.

आदल्या दिसा पांचूय आरोपींक न्यायालयांत हाजीर करचे पयलीं वैजकी तपासणे खातीर सिव्हिल हॉस्पिटलांत व्हेले. सगळ्यांचे लक्ष आशील्या ह्या प्रकरणाची सखोल चौकशी सुरू आसा कारण पोलिस हत्येफाटलो कथित कटाचो पुराय विस्तार उघड करपाचो प्रयत्न करतात.

क्रिकेट 25

क्रिकेटांत भारत आनी इंग्लंड हांचे मदीं पांच मॅचींच्या तेंदुलकर-अँडरसन ट्रॉफी मालिकेची पयली कसोटी आयज लीड्सांतल्या हेडिंग्ले हांगा सुरू जाता. खेळ भारतीय वेळे प्रमाण दनपारा 3:30 वराचेर सुरू जातलो .

चेस 75

लंडनांत जाल्ले वर्ल्ड टीम ब्लिट्झ चॅम्पियनशिपांत दुसऱ्या पावडयार संवसारीक क्रमांक एक हौ यिफानाक हारावपी भारताचे मुखेल बुध्दिबळ खेळगडे दिव्या देशमुखाक प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी परबीं दिल्या. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मोदी हांणी सांगलें की दिव्याचें यश तिच्या धैर्य आणि दृढनिश्चयाक अधोरेखित करता. आनी जायत्या बुध्दिबळ खेळगड्यांकय प्रेरणा दिता. तशेंच प्रधानमंत्र्यान दिव्याक तिच्या फुडाराच्या प्रयत्नांक शुभेच्छा दिली. प्रधानमंत्र्याच्या संदेशाक जाप दितना दिव्यान सोशल मिडिया पोस्टांत म्हणला की, प्रधानमंत्र्यान तिका मान्यताय दिवप हो एक व्हड भोवमान आनी प्रोत्साहन आसा.

IMD 50

नैऋत्य पावसाळ्यान बिहार आनी उदेंत उत्तर प्रदेश व्यापला अशें भारतिय हवामान खात्यान फुडल्या कांय दिसांनी पावस उत्तर आनी मध्य भारतांत फुडें वतलो अशें सांगलां. भारतिय हवामान खात्यान आयज हरियाणा, दिल्ली, अस्तंत उत्तर प्रदेश, राजस्थान, गुजरात, कोंकण आनी गोंय, मध्य प्रदेश, ओडिशा, उत्तराखंड, अरुणाचल प्रदेश, आसाम आनी बिहार ह्या वाठारांनी एकसुरे सुवातेर पावस पडपाचो अदमास काडला